(लोगो)

गोंय सरकार

**बायल आनी भुरगें कल्याण संचालनालय**

शांता बिल्डिंग, पयली माळी, सांतिनेज

पणजी, गोंय.

फॅक्स :- (0832) 2424238 फोन :- (0832) 2235308 / 2426112 ई-मेल :- dir-wcd.goa@nic.in

---

1. क्र. 2 / 279 / LL/ 2012 / DW&CD / ता. :30/ 04/ 2013

जे अर्थी, गोंय सरकारान 06 / 07 / 2012 हे तारखेक क्र. 2 / 279 / LL/ 2012 / DW&CD / 2562 हे अधीसूचोवणे वरवीं क्र. 16, वळेरी–I, ता. 19 /07/2012 ह्या दिसा लाडली लक्ष्मी येवजण राजपत्रांत उजवाडायिल्ली.

आनी जे अर्थी, उपरांत अधीसूचोवणी क्र. 2 /279 / LL/ 2012 / DW&CD /2969 ता. 07/08/2012 खाला तातूंत दुरुस्ती करून क्र. 19, वळेरी–I, ता. 09 /08/2012 ह्या दिसा राजपत्रांत उजवाडायिल्ली., आनी अधीसूचोवणी क्र. 2 /279 / LL/ 2012 / DW&CD /4162 ता. 22/04/2013 दिसा क्र. 4, वळेरी–I, ता. 25 /04/2013 ह्या दिसा राजपत्रांत उजवाडायिल्ली.

ते अर्थी, सरकार आता ही लाडली लक्ष्मी येवजण नव्यान उजवाडायता. ती सकयल दिल्लेप्रमाण आसा ः

# लाडली लक्ष्मी येवजण

## येवजणेचो हेत

आमच्या समाजांत जंय चली भुरग्याचो जल्म म्हळ्यार आवय–बापूय वा पालकांचेर व्हड अर्थीक वजें अशें मानपांत येता. तातूंतल्यान चली भुरगें जल्माक येवचे आदींच ताची हत्या करपाची प्रवृत्ती वाडीक लागता. ही प्रवृत्ती उणी जावची आनी राज्यांत चलयांचें प्रमाण वाडपाक आदार जावचो, तशेंच चली भुरगें म्हळ्यार पालकांवयलें अर्थीक वजें थारचें न्हय ह्या हेतान ही येवजण तयार केल्या. धुवेचें लग्न हें आवय–बापूय वा पालकांक वजें थारचें न्हय होय हेत ही येवजण चलणुकेंत हाडपा फाटल्यान आसा. तशेंच ही येवजण म्हळ्यार खंयचेच बाबतींत हुंड्याचे चालीक उर्बा वा पोसवण दिवपी आसा असो गैरसमज कोणें करून घेवचो न्हय.

### 1 ः संक्षिप्त नांव व सुरवात :–

(1) हे येवजणेक **'लाडली लक्ष्मी येवजण'** ह्या नांवान वळखतले.

(2) ही येवजण तत्काळ चलणुकेंत येतली.

### 2 ः पात्रताय आनी हेर अटी :–

(1) **कोणूय चली (तरणाटी),** जी मुखार दिल्ल्या अटींची पूर्तताय करता, ती अर्ज करपाक पात्र आसा ः

(ए) गोंयांत जल्म.,

(बी) फाटलीं उणींच 15 वर्सां गोंयांत राबितो., आनी

(सी) (i) जिचो आवय वा बापूय हांचे मदल्या एकल्याचो तरी जल्म गोंयांत जाला आनी फाटलीं15 वर्सां गोंयांत रावता., वा

(ii) जिचो आवय वा बापूय हांचे मदलो एकलो तरी फाटलीं 25 वर्सां गोंयांत रावता.

अशें आसलें तरीय, एखादी चली वा तरणाटेचो जल्म गोंयांभायर जाल्लो आसूनय फुडें दिल्ल्यो अटी पुराय करता आसत जाल्यार येवजणेक पात्र थारपाक शकता :

(ए) फाटलीं उणींच 15 वर्सां गोंयांत रावता.,

(बी) गोंयांत शिक्षण., आनी

(सी) (i) जिचो आवय वा बापूय हांचे मदल्या एकल्याचो तरी जल्म गोंयांत जाला आनी फाटलीं15 वर्सां गोंयांत रावता., वा

(ii) जिचो आवय वा बापूय हांचे मदलो एकलो तरी फाटलीं 25 वर्सां गोंयांत रावता.

(2) कसलेय पात्रतेविशीं कसलोय दुबाव उप्रासलो, जाल्यार फुडें दिल्ल्या वांगड्यांची समिती अशा प्रश्नाचेर निर्णय घेतली :

(i) बायल आनी भुरगें कल्याण खात्याचो ताबो आशिल्लो गोंय सरकाराचो सचीव हे समितीचो अध्यक्ष आसतलो,

(ii) सरकारान वांगडी म्हूण नियुक्त केल्लो एखादो समाजवावुरपी,

(iii) अर्थ खात्याचो ताबो आशिल्लो गोंय सरकाराचो अतिरिक्त/ जोड सचीव – वांगडी, आनी

(iv) बायल आनी भुरगें कल्याण खात्याचो संचालक – वांगडी सचीव.

(3) हे समितीचो निर्णय निमाणो आनी सगल्यांचेर बांदील आसतलो. येवजणे खाला त्या निर्णयाचो फेरविचार करपाची विनवणी वा अपील करपाक मेळचें ना.

(4) अनाथ वा आलाशिरो नाशिल्लें, अनैतीक संबंधांतल्यान जल्माक आयिल्लें वा पोसकें घेतिल्लें भुरगें वा हे येवजणे खाला येवपी चली भुरग्या कडल्यान आयिल्ले अर्ज, पालक वा तांचो सांबाळ करपी संस्थे कडल्यान आयिल्ले आसत जाल्यार, ते सगले अर्ज वयर उल्लेख केल्ले समिती कडेन धाडचे पडटले.

(4) (अ) लग्नाक घरच्यांचो विरोध बी आशिल्ल्यान एखादी तरणाटी पालकांचो जल्म, राबितो, हांचेविशीचीं कागदपत्रां सादर करपाक शकना, जाल्यार अशे अर्ज निर्णया खातीर समिती कडेन धाडचे.

(5) लाबार्थ्यांची दोन गटांत विभागणी जातली. ती मुखार दिल्ले प्रमाण :–

(ए) 01.04.2012 दिसा वा ताचे उपरांत पिरायेचीं 18 वर्सां पुराय करपी अर्जदार, आनी

(बी) 01.04.2012 पयलीं पिरायेचीं 18 वर्सां पुराय करपी 19 ते 40 वर्सां ह्या पिराय गटांतले अर्जदार.

**3. कार्यपद्धत :–** (1) हे येवजणे सकयल्या लाबार्थींक, बायल आनी भुरगें कल्याण खात्याचो संचालक आनी अर्जदार (तरणाटी) हांच्या जोड नांवाचेर उगडिल्ल्या बँक खात्यांत कायम ठेवीच्या रुपांत एक लाख रुपया अर्थीक आदार दितले.

(2) हे येवजणेंतले तजविजेप्रमाण अर्जदार दावो करीना ते मेरेन वा पिरायेचीं 40 वर्सां पुराय जाय मेरेन (जें पयलीं घडटलें तें) कायम ठेवीचें एकठांय जाल्ल्या कळंतरा सयत दरवर्सा आपसूक नुतनीकरण जातलें.

हे येवजणेची बँक/ अर्थीक संस्थेवतीन कार्यवाही करपा खातीर सरकार समजीकाय कबलात करतलें. ते कबलातींत बँक खातें चालोवप, कायम ठेवी रक्कम/ प्रमाणपत्र, कळंतर दर, लाबार्थींक रक्कम दिवप, बँक / अर्थीक संस्थेक सरकारान निधी दिवप, एखादें खातें बंद केले उपरांत सरकाराक दिवपाची रक्कम हो सगलो तपशील नमूद करले.

**4.** **अर्ज करपाची पद्दत :–** (1) जे अर्जदार 1 एप्रिल 2012 दिसा वा ताचे उपरांत पिरायेचीं 18 वर्सां पुराय करतले (येवजणेच्या कलम 2(5)(ए) खाला येवपी चलयो) तांणी सरकारान थारायिल्ल्या सकयल दिल्ल्या (येवजणेचे **जोडपत्र–I** प्रमाण) नमुन्यांत संचालक, बायल आनी भुरगें कल्याण खातें, पणजी–गोंय, हांचे कडेन अर्ज करचो. अर्ज पुरायेन भरिल्लो आसचो, वांगडा पासपोर्ट आकाराचे दोन फोटे आनी मुखार सांगिल्लीं कागदपत्रां जोडचीं :

i) अर्जदाराच्या जल्मदाखल्याची प्रमाणीत प्रत.

ii) अर्जदार 15 वर्सां गोंयांत रावता हें सिद्ध करपी एखाद्या दाखल्याची प्रमाणीत प्रत. राबितो दाखल्या बदला आदली शाळा सोडिल्ल्याचो दाखलो, आनी सध्या तरणाटी शिकता ते मान्यताप्राप्त शिक्षणीक संस्थेचें अधिकृत (बोनाफायड) विद्यार्थी प्रमाणपत्र सादर करपाक मेळटलें. अशें आसलें तरीय, जे तरणाटेन अर्ध्यारूच शाळा सोडल्या, तिणें शाळा सोडीतसावन 18 वर्सां पुराय / लग्न जाल्ल्या कालावधी मेरेन (जें लागू आसतलें तें), राबितो दाखलो सादर करपाक मेळटलो. पदवीधर आसत जाल्यार धावी, बारावी आनी पदवी प्रमाणपत्र इतलो पुरावो पुरो जातलो.

iii) पालकांचो 15 वा 25 वर्सांचो राबितो दाखलो (जें लागू आसतलें तें), राबितो दाखल्या बदला थारायिल्ल्या काळा खातीर राबितो आशिल्ल्याचें सिद्ध करपी हेर कसलोय दाखलो, जातूंत फुडें दिल्ल्या दाखल्यांचो आसपाव आसपाक शकता.

(ए) जमीन नोंदणी कागदपत्र : कूळ हक्क, मुंडकार हक्क, ताबो हक्क, आदीं.,

(बी) रोजगार प्रमाणपत्र, वा.,

(सी) समितीचें समाधान जातलें असो हेर कसलोय दाखलो.

iv) पालक/ पालकांचो जल्म दाखलो. जल्म दाखलो उपलब्ध नासत जाल्यार, पालकांची जल्म तारीख आनी जल्म सुवात दाखोवपी फुडें दिल्लो एखादो दाखलो सादर करपाक मेळटलो.

(ए) बाप्तीज्म दाखलो.,

(बी) पालक / पालकांचो शाळा सोडिल्ल्याचो दाखलो.,

(सी) पालकांनी जल्म तारखेचो जो दावो केला त्या अदमासाक अर्जदार तरणाटेचो आजो वा आजी हांचेमदलो एकलो गोंयांत रावतालो हें सिद्ध करपी एखादो दाखलो, वा.,

(ड) पालक / पालकांची जल्म तारीख सिद्ध करपी हेर कसलोय दाखलो.

v) आधारकार्ड आसत जाल्यार ताची प्रमाणीत प्रत, आनी

vi) हे येवजणेच्या (**जोडपत्र–II**)त दिल्ल्या नमुन्यांतलें प्रतिज्ञापत्र.

vii) एखाद्या प्रकारात एखादे तरणाटेचो बापूय / आवय राज्य सरकार वा केंद्र सरकार वा सरकारी नियंत्रणांतलें भौशीक आस्थापन हातूंतले कर्मचारी आसात, जाल्यार राबितो दाखल्याच्या बदला, अशे अर्जदार खाते मुखेल्यान दिल्लें 25 वर्सांचें सेवा प्रमाणपत्र सादर करपाक शकतात. अशें आसलें तरीय, चली भुरगें गोंयांतूच जल्मल्लें आसपाक जाय आनी ताचें धावी मेरेनचें शिक्षण गोंयांत जाल्लें आसपाक जाय.

**कळोवणी 1 :–** 01.04.2013 उपरांतच्या सगल्या अर्जदारांक आधारकार्ड सक्तीचें आसतलें. अशें आसलें तरीय, एखादो खासा आदेश काडून सरकार आधारकार्ड वा हेर दाखले सादर करपाची अट आनीक कांय दिसांखातीर सदळ करपाक शकतलें.

**कळोवणी 2 :–** दरेक अर्जाक (**जोडपत्र–I**) अनुक्रमांक आसतलो. हे अर्ज बायल आनी भुरगें कल्याण संचालकान अधीसूचीत केल्ले अधिकारी / थारायिल्ल्या बँकांतल्यान उपलब्ध आसतले. हेर कसल्याय नमुन्यांतले अर्ज वा अर्जाची छापील प्रत स्वीकारचे नात.

**कळोवणी 3 :–** अर्जदारान (**जोडपत्र–I**) तल्या अर्जाचेर आमदार, खासदार, सरकारी अधिकारी (गोंय सरकाराचो अतिरिक्त / खास सचीव ह्या हुद्द्या सकयलो अधिकारी नासचो) वा जिल्ल्याधिकारी हांचे फुड्यांत सय करची पडटली.

(2) 01.04.2012 हे तारखे आदीं 18 वर्सां वा ताचे परस चड पिराय जाल्ल्या लाबार्थींचे बाबतींत (वयले येवजणेच्या कलम 2(5)(बी) खाला आसपावीत जाल्ले लाबार्थी) लग्न जाल्लें आसा वा फुडाराक जावपाचें आसत जाल्यार तांकां **जोडपत्र–I** वांगडा दिल्ल्या निर्धारीत नमुन्यांत, बायल आनी भुरगें कल्याण संचालक, पणजी–गोंय हांचे कडेन अर्ज करपाक मेळटले. त्या अर्जा वांगडा वयल्या कलम 4(1) त नमूद केल्ले सगले दाखले तशेंच फुडें सांगिल्लीं अतिरिक्त कागदपत्रांय सादर करचीं पडटलीं.

i) लग्न नोंदणी दाखल्याची प्रमाणीत प्रत. (पयल्या नोंदणी दाखल्याची प्रतूय जोडची). मात हो दाखलो ता. 01.04.2012 दिसाचो वा ताचे उपरांतचोच आसचो.

(3) ही येवजण राजपत्रांत उजवाडा आयिल्ल्या दिसाच्यान वा 18 वर्सां पुराय जाले उपरांत वा लग्नाचो नोंदणी दाखलो मेळटकूच 180 दिसां भितर अर्ज सादर करपाक जाय. 180 दिसां उपरांत आयिल्ले अर्ज भायर मारतले.

(4) गरजेच्या दाखल्यांसयत पुरायेन भरिल्ले जे अर्ज बायल आनी भुरगें कल्याण संचालका कडेन येतले, तांची दाखल जाल्यात त्याच अनुक्रमान छाननी करून, बायल आनी भुरगें कल्याण संचालक ते मंजूर करतले.

(5) सरकारान जाहीर केल्ले प्रमाण अर्जदाराक बँक /अर्थीक संस्थेच्या गोंयांतल्या एखाद्या फांट्यांत खातें उगडचें पडटलें.

(6) लग्नाची नोंदणी जाले उपरांत रक्कम मेळोवपा खातीर लाबार्थीक निर्धारीत अधिकारी वा बायल आनी भुरगें कल्याण खात्याच्या संचालका मुखार प्रत्यक्ष हाजीर रावन रक्कम काडपाचो आदेश / पत्र मेळोवचें पडटलें. हो आदेश / पत्र संबंदीत बँक / अर्थीक संस्थेंत सादर करून येणें आशिल्ली रक्कम मेळोवची पडटली. लग्न नोंदणी दाखलो (जातूंत पयल्या नोंदणी दाखल्याचोय आसपाव आसचो) सादर केले उपरांतूच रक्कम काडून घेवपाचो आदेश / पत्र दितले.

**5. हेर अटी :** (1) लाबार्थीक लग्नाआदीं मरण आयलें जाल्यार, संबंदीत बँक / अर्थीक संस्थेन, कायम ठेवींतली रक्कम बायल आनी भुरगें कल्याण संचालकांक परत करपाक जाय. संचालक ती रक्कम गरजेच्या सरकारी खात्यांत जमा करतलो.

(2) ही येवजण चलणुकेंत हाडपा खातीर सरकारान निर्धारीत केल्ले बँकेत / अर्थीक संस्थेंत स्वतंत्र खातें उगडटले. ती बँक / अर्थीक संस्थेन, बायल आनी भुरगें कल्याण संचालकान वेळावेळार दिल्ली मान्यताय / आदेशा प्रमाण, अर्ज करप्याच्या नांवान कायम ठेव तयार करची पडटली.

(3) बायल आनी भुरगें कल्याण संचालक वा हेर मान्यताप्राप्त अधिकाऱ्यान दिल्लो रक्कम काडपाचो आदेश / पत्र, लाबार्थीन बँक अधिकाऱ्या मुखार स्वतः हाजीर रावन सादर केले उपरांतूच कायम ठेवींतली रक्कम बँक / अर्थीक संस्थेंतल्यान काडपाक मेळटली.

(4) एका लाबार्थीक जिणेंत फकत एकेच फावटीं हे येवजणेचो लाब मेळटलो.

(5) लाबार्थीक दिवंक नाशिल्ली रक्कम, तिच्या एकठांय जाल्ल्या कळंतरा सयत सरकारी खात्यांत परती जमा करची पडटली. हे रकमेचेर कुटुंबांतल्या हेर कोणाचोच / जोड सय करपी/ पालक (जसो प्रकार आसत तसो) हांचो कसलोच अधिकार / दावो आसचो ना.

(6) पिरायेचीं 40 वर्सां पुराय जायमेरेन लाबार्थीन दावो केलोना जाल्यार कायम ठेव बंद करून, एकठांय जाल्ल्या कळंतरा सयत सगली रक्कम सरकाराक परती दिवंची पडटली. संबंदिताक हेर कसलेच तरेचो आदार दिवंचे नात.

(7) बायल आनी भुरगें कल्याण संचालक वा वयल्या कलम 2(2) प्रमाण घडयिल्ले समितीन, छाननी उपरांत एखादो अर्ज भायर मारलो जाल्यार त्या अर्जाविशीं कसलोच वाद करपाक मेळचो ना. हे येवजणेखाला एखादे व्यक्तीन अर्ज केलो म्हणटकूच ती लाब मेळोवपाक पात्र थारली वा तिका तसो अधिकार प्राप्त जालो, अशेंय काय आसचें ना.

(८) वर्सुकी अर्थसंकल्पांत तजवीज केल्लो निधी उपलब्ध आसत जाल्यारूच हे येवजणेखाला लाबार्थीक रक्कम दितले.

**6. सूट दिवपाचो अधिकार :-** *(1)* ही येवजण चलणुकेंत हाडटना येवपी अडचणी सुटाव्यो करपा खातीर वयल्या कलम 2(2) प्रमाण चार वांगड्यांची समिती घडयतले.

(2) ते समितीचो निर्णय निमणो आनी सगल्या संबंदितांचेर बांदील आसतलो.

(3) हे पुराय येवजणेंत दुरुस्ती, सुदारणा करप वा येवजणेचो एखादो भाग वा पुराय येवजणूच रद्द करप हे अधिकार सरकाराक आसतले.

**गोंय राज्यपालांच्या आदेशान आनी तांच्या नांवान**

(सुनिल पी. मसुरकर)

**संचालक आनी सरकाराचो पदसिद्ध जोड सचीव,**

**बायल आनी भुरगें कल्याण खातें**

**मोल : 5 /- रुपया** **अ. क्र. -----**

**जोडपत्र - I (बँक प्रत)**

| |
|---|
| आमदार / खासदार / गोंय सरकाराचो अतिरिक्त खासा सचीव ह्या हुद्द्या सकयलो नाशिल्लो सरकारी अधिकारी हांणी सय केल्लो अर्जदाराचो पासपोर्ट आकाराचो फोटू. |

# लाडली लक्ष्मी येवजणे खातीर अर्ज

**भाग I**

1. * अर्जदाराचें नांव (चली) ..........................................................

2. * अर्जदाराची जल्म तारीख ....... / ......... / ............

3. * अर्जदाराचें नांव (i) आवयचें : ..................................

(ii) बापायचें : ................................

(iii) पालकाचें : ................................

4. लग्न जाला : हय / ना

5. * राबित्याचो पत्तो (पूर्ण) : ..........................................................

घर क्रमांक : ..........................................................

प्रभाग क्रमांक : ..........................................................

रस्तो / इमारतीचें नांव : ..........................................................

शार / गांव : ..........................................................

मतदारसंघ : ..........................................................

तालुको : ..........................................................

जिल्लो : ..........................................................

पोस्ट कार्यालय : ..........................................................

पीन कोड : ..........................................................

6. * संपर्क म्हायती (1) फोन क्र. ......................... (2) मोबायल क्र. ...........................

7. * धर्म हिंदू.............. मुस्लीम.................. क्रिश्चन........... हेर................

8. वर्ग

(एससी / एसटी / ओबीसी / हेर वर्ग) : ..........................................................

9. रेशनकार्ड क्रमांक : ..........................................................

10. * आधारकार्ड क्रमांक : ..........................................................

11. ईपीक क्रमांक : ..........................................................

12. हेर कसलीय म्हायती : ..........................................................

# प्रतिज्ञापत्र

हांव, सकयल सय करपी, हेवरवीं जाहीर करतां की, वयर दिल्ली सगली म्हायती खरी आनी सत्य आसा. तातूंत चुकीची म्हायती ना आनी **हावें हाचे आर्दी हे येवजणेचो लाब घेवंक ना**. एखादी म्हायती / कागदपत्र फट वा चुकीचें आसा अशें सिद्ध जालें जाल्यार ताची पुराय जापसालदारकी म्हजी स्वतःची आसतली. ते खातीर फौजदारी गुन्यांवांसयत कायदेशीर कारवाय करपाचें स्वातंत्र्य अधिकाऱ्यांक आसतलें.

**(अर्जदाराचें नांव आनी सय)**

हे तारखेक : ....... / ...... / .......

**हांचे हजेरेंत सय केली :**

**सय, नांव आनी शिक्को**
**आमदार/ खासदार, गोंय सरकाराचो अतिरिक्त खासा सचीव, ह्या हुद्द्या सकयलो नाशिल्लो सरकारी अधिकारी आनी जिल्ल्याधिकारी.**

**कळोवणी : * ही कुरू आशिल्ले मुद्दे गरजेचे आसात.**

---

# फकत कार्यालयीन वापरा खातीर

**बँकेक अधिकारपत्र**

ता : ............................

सेवेक,

फांटो वेवस्थापक / अधिकृत अधिकारी

........................ ......................... (बँकेचें नांव)

भौ.

कु. ................................................................. हांचो तपशील तपासून पळयिल्लो आसा. तिका रु. 1,00,000 /– रोख / कायम ठेवीच्या रुपांत दिवपाचो अधिकार तुमकां दितात.

**संचालक**

**बायल आनी भुरगें कल्याण संचालनालय**

**मोल : 5 /- रुपया** **अ. क्र. ----**

**जोडपत्र - I (कार्यालय प्रत)**

आमदार / खासदार / गोंय सरकाराचो अतिरिक्त खासा सचीव ह्या हुद्द्या सकयलो नाशिल्लो सरकारी अधिकारी हांणी सय केल्लो अर्जदाराचो पासपोर्ट आकाराचो फोटू.

# लाडली लक्ष्मी येवजणे खातीर अर्ज

**भाग I**

1. * अर्जदाराचें नांव (चली) ..............................................................

2. * अर्जदाराची जल्म तारीख ......./........./............

3. * अर्जदाराचें नांव (i) आवयचें : ..................................
(ii) बापायचें : ...............................
(iii) पालकाचें : ...............................

4. लग्न जाला : हय / ना

5. * राबित्याचो पत्तो (पूर्ण) :..........................................................................................
घर क्रमांक :..........................................................................................
प्रभाग क्रमांक :..........................................................................................
रस्तो / इमारतीचें नांव :..........................................................................................
शार / गांव :..........................................................................................
मतदारसंघ :..........................................................................................
तालुको :..........................................................................................
जिल्लो :..........................................................................................
पोस्ट कार्यालय :..........................................................................................
पीन कोड :..........................................................................................

6. * संपर्क म्हायती (1) फोन क्र. ........................ (2) मोबायल क्र. ..........................

7. * धर्म हिंदू.............. मुस्लीम.................. क्रिश्चन........... हेर................

8. वर्ग
(एससी / एसटी / ओबीसी / हेर वर्ग) :.......................................................................

9. रेशनकार्ड क्रमांक :.......................................................................

10. * आधारकार्ड क्रमांक :.......................................................................

11. ईपीक क्रमांक :.......................................................................

12. हेर कसलीय म्हायती :.......................................................................

# प्रतिज्ञापत्र

हांव, सकयल सय करपी, हेवरवीं जाहीर करतां की, वयर दिल्ली सगली म्हायती खरी आनी सत्य आसा. तातूंत चुकीची म्हायती ना आनी **हावें हाचे आदीं हे येवजणेचो लाब घेवंक ना**. एखादी म्हायती / कागदपत्र फट वा चुकीचें आसा अशें सिद्ध जालें जाल्यार ताची पुराय जापसालदारकी म्हजी स्वतःची आसतली. ते खातीर फौजदारी गुन्यांवांसयत कायदेशीर कारवाय करपाचें स्वातंत्र्य अधिकाऱ्यांक आसतलें.

**(अर्जदाराचें नांव आनी सय)**

हे तारखेक : ....... / ...... / .......

**हांचे हजेरेंत सय केली :**

**सय, नांव आनी शिक्को**
**आमदार/ खासदार, गोंय सरकाराचो अतिरिक्त खासा सचीव, ह्या हुद्द्या सकयलो नाशिल्लो सरकारी अधिकारी आनी जिल्ल्याधिकारी.**

**कळोवणी : * ही कुरू आशिल्ले मुद्दे गरजेचे आसात.**

## भाग II

अर्जा वांगडा मुखार दिल्ले दाखले सादर करचे पडटले.

1. अर्जदाराचो स्वता प्रमाणीत केल्लो जल्मदाखलो.
2. अर्जदाराचो राबितो दाखलो. राबितो दाखल्याच्या बदला आदली शाळा सोडिल्ल्याचो दाखलो आनी सद्या चली भुरगें शिकता ते मान्यताय आशिल्ले शिक्षणीक संस्थेचें अधिकृत विद्यार्थी प्रमाणपत्र सादर करूं येता. अशें आसलें तरीय, अर्दारूच शाळा सोडिल्ल्या चलयांनी शाळा सोडल्या तेन्नासावन ते 18 वर्सां पुराय / लग्न जायमेरेन (जें लागू असतलें तें), राबितो दाखलो सादर करूं येता. पदवीधर आसत जाल्यार धावी, बारावी आनी पदवी प्रमाणपत्र इतलो पुरावो पुरो जातलो.
3. रेशनकार्डाची स्वता प्रमाणीत केल्ली प्रत.
4. आधारकार्डाची स्वता प्रमाणीत केल्ली प्रत.
5. लग्न नोंदणी प्रमाणपत्राची स्वता प्रमाणीत केल्ली प्रत. (हातूंत पयल्या लग्न नोंदणी दाखल्याचो आसपाव जावपाक शकता).
6. अर्जदाराच्या खंयच्याय एका पालकाच्या 15 वर्सां वा 25 वर्सां, हांचेमदलें जें लागू आसतलें तें, राबितो दाखल्याची स्वता प्रमाणीत केल्ली प्रत. ह्या दाखल्याच्या बदला, थारायिल्ल्या काळा खातीर राबितो आशिल्ल्याचें सिद्ध करपी हेर कसलोय पुरावो, जातूंत मुखार सांगिल्ल्या दाखल्यांचो आसपाव जावंक शकता.
    - i. जमीन नोंदणी कागदपत्र. कुळ हक्क, मुंडकार हक्क, ताबो हक्क, आदीं.
    - ii. रोजगार प्रमाणपत्र, वा.,
    - iii. समितीक मान्य जातलो असो हेर कसलोय दाखलो.
7. अर्जदाराच्या खंयच्याय एका पालकाच्या जल्म दाखल्याची स्वता प्रमाणीत केल्ली प्रत.

जल्म दाखलो उपलब्ध नासत जाल्यार, पालक / पालकांची जल्म तारीख आनी जल्माची सुवात सिद्ध करपी मुखार सांगिल्लो एखादो दाखलो सादर करूं येता.

- i. बाप्तीज्म दाखलो,
- ii. पालक / पालकांचो शाळा सोडिल्ल्याचो दाखलो,
- iii. पालक / पालकांनी जल्मतारखेचो जो दावो केला त्या सुमाराक अर्जदार तरणाटेचो आजो वा आजी हांचे मदलो कोणूय एकलो गोंयांत रावतालो हें सिद्ध करपी एखादो दाखलो वा.,
- iv.पालक / पालकांची जल्मतारीख सिद्ध करपी हेर कसलोय दाखलो.

8. 20 रुपयांचो स्टॅम्पपेपर / वा खास ॲडेसीव्ह स्टॅम्प लावन जोडपत्र–II त दिल्ल्या नमुन्यांतलें प्रतिज्ञापत्र.
9. रेव्हेन्यू स्टॅम्प दसयिल्ली थारायिल्ल्या नमुन्यांतली पोच–पावती (डुप्लीकेट प्रतीसयत)

# जोडपत्र- II

(रित्यो सुवातो भरात आनी जें लागू जावचेंना तें खोडात)

(20 रुपयांच्या स्टॅम्प पेपराचेर वा 20 रुपयांचो खासा अॅडेसिव्ह स्टॅम्प दसयात)

# प्रतिज्ञापत्र

हांव .................... श्री ........................ हांची धूव, पिराय ........... भारतीय नागरिक ...................... हांगां रावपी सोपूत घेवन अशें निवेदन करतां की,

1. 'लाडली लक्ष्मी येवजणे' खाला अर्थीक आदारा खातीर हांवें अर्ज केला.

2. म्हजो जल्म ता. ..... / ...../ ....... दिसा ............... राज्यातल्या ..................... हांगां जाला.

3. ता. ..... / ...../ ....... दिसा हांवें पिरायेचीं 18 वर्सां पुराय केल्यांत आनी म्हजी पिराय 40 वर्सां परस चड ना.

4. हांव ................ धर्माचें आसा.

5. हांव एससी / एसटी / ओबीसी / हेर गटांतलें आसा.

6. वयर दिल्ल्या पत्याचेर फाटल्या ....... वर्सांच्यान हांव रावतां आनी फाटल्या ....... वर्सांच्यान हांव गोंयचें नागरिक आसा.

7. म्हजो बापूय / आवय ..................... (बापूय / आवय हांचें नांव) गोंयांत जल्मल्यात आनी तेय फाटल्या ....... वर्सांच्यान गोंयचे नागरीक आसात.

8. म्हजो बापूय / आवय ....................... (बापूय / आवय हांचें नांव) फाटल्या ........... वर्सांच्यान गोंयांत रावतात.

9. गोंयांतले ......................... (शिक्षण संस्थेचें नांव आनी पत्तो) ................ पसून ............. मेरेन म्हजें शिक्षण जालां / सध्या शिक्षण घेत आसां.

ता : ..... / ...... / ....... ह्या दिसा हांव सोपूत घेवन विधान करतां.

______________________

**सय करपी**

**हांच्या फुड्यांत :**

अ. क्र.-----

# पोच-पावती

लाडली लक्ष्मी येवजणे खाला अर्थीक आदार म्हूण, बायल आनी भुरगें कल्याण संचालक, पणजी हांचे कडल्यान रु. 1,00,000/- (रुपया एक लाख फकत) कायम ठेव / रोख रुपांत मेळ्ळे. उपकारी आसा.

रु. 1 चो
रेव्हेन्यू स्टॅम्प

नांव : ____________________

पत्तो : ____________________

____________________

तारीख :

____________________

सुवात :

---

अ. क्र. ------

# पोच-पावती

लाडली लक्ष्मी येवजणे खाला अर्थीक आदार म्हूण, बायल आनी भुरगें कल्याण संचालक, पणजी हांचे कडल्यान रु. 1,00,000/- (रुपया एक लाख फकत) कायम ठेव / रोख रुपांत मेळ्ळे. उपकारी आसा.

नांव : ____________________

पत्तो : ____________________

____________________

तारीख :

____________________

सुवात :